**राज्यपालान ‘परीक्षा पे चर्चा’ कार्यक्रमाचें थेट प्रक्षेपण पळयलें**

ता. 10 फेब्रुवारी 2025

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी राजभवनार दूरदर्शनाचेर परीक्षा पे चर्चा कार्यक्रमाचें थेट प्रक्षेपण पळयलें. प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी परीक्षा पे चर्चा कार्यक्रमात देशांतल्या विद्यार्थ्यां कडेन संवाद साधलो. परीक्षेचो ताण कमी करून शिकप मनोरंजनात्मक करपाच्या ह्या कार्यक्रमाच्या ८व्या आवृत्तीचें प्रक्षेपण दूरदर्शन आनी हेर प्रसार माध्यमांचेर जाले.

प्रधानमंत्र्यांच्या ह्या कार्यक्रमाचो फायदो विद्यार्थ्यी, शिक्षक आनी पालकांक जाता. ह्या कार्यक्रमा वरवीं परीक्षा आनी शिक्षणातलो ताण पयस करपाक अभ्यासाचे योग्य वेवस्थापन करपा बाबतीत तशेंच विद्यार्थ्यांची बुद्दीमत्ता वाडोवपा विशीं मार्गदर्शन जाता. ह्या कार्यक्रमाचें प्रक्षेपण पीएमओ यु-ट्युब आनी समाज माध्यमां वयल्यानय जाता.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/133

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.